19th August 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फुडले पिळगेंच्या सुदारणां खातीर, कार्य योजनांचो नियाळ घेवपाखातीर, उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली.
- चीनाचे विदेश वेव्हार मंत्री वांग यी, आयज राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांचेकडेन, शिम प्रस्नाचेर चर्चा करतले.
- युक्रेनांतलें झूज सोंपपाक मजत करपा खातीर, रशियन आनी युक्रेनच्या राष्ट्राध्यक्षां मदीं, समोरासमोर उलोवपाची वेवस्था करतले, अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केलां.
- कझाकस्तानांतल्या शिमकेंटांत जाल्ल्या, सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत, भारताच्या गिरीश गुप्तान 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत, भांगरा पदक जिखलां.
- भारतिय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

पीएम बसका - 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फुडले पिळगेंच्या सुदारणां खातीर, कार्य योजनांचो नियाळ घेवपाखातीर, उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. तातूंत जिणेचो दर्जो वाडोवप, वेवसाय करपाक सोंपेंपण हाडप आनी समावेशक समृध्दी वाडोवपाखातीर, उपायांक गती दिवपाचेर भर दिल्लो. प्रशासन सोंपें करपा खातीर, अर्थीक वाड घटमूट करपा खातीर आनी नागरिकांक ह्या उपायांतल्यान थेट फायदो मेळचो हे खातीर, आराखडो केल्ल्या पांवड्याविशीं, अधिकाऱ्यांनी प्रधानमंत्री मोदी हांका म्हायती दिली. प्रधानमंत्र्यानी स्वातंत्र्य दिसा केल्ल्या संबोधना उपरांत, ही उंचेल्या पांवड्यावेली बसका जाली. त्या संबोधनात प्रधानमंत्र्यांनी, जीएसटी सुदारणांच्या रुपांत "दीवाळी भेट" आनी कर भार कमी करपाचें उतर दिल्ले. बसके उपरांत, प्रधानमंत्र्यानी सोशल मिडिया माध्यमार पोस्ट केल्ल्या संदेशात म्हला, कि सरकार जिणेची सोय वाडोवप, वेवसाय करपाची सोय वाडोवप आनी एकंदर

समृध्दी वाडोवपाचो हेत दवरून, नेटान सुदारणा करपाक कटिबद्ध आसा. भारताची अर्थवेवस्था घटमूट करपा खातीर, मुळावी बांदावळ सुदारपा खातीर रणनिती धोरणां तयार करपाचो हेत आशिल्ले हे बसकेंत गृहमंत्री अमित शाह, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग, रस्तो येरादारी मंत्री नितीन गडकरी, कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान, अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण, आनी वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांणी वांटो घेतलो.

चीन डोवाल - 130

दोन दिसांच्या अधिकृत भारत भेटीर आशिल्ले, चीनाचे विदेश वेव्हार मंत्री वांग यी, आयज राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांचे कडेन शिमेच्या प्रस्नाचेर खाशेले प्रतिनिधी संवादाचे 24वे फेरयेंत चर्चा करतले. ते आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचींय भेट घेवपाचे आसात. अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण, राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार हांचे कडेन जावपी बसकेंत, शिम परिस्थिती, वेपार, आनी उड्डाण सेवा परतून सुरू जावपाची शक्यताय, अशा साबार विषयांचेर भासाभास जावपाची आस्त आसा. द्विपक्षीय संबंदांत खंयचेय सकारात्मक गतीचो आदार म्हणल्यार, शिमेवयल्या वाठारांनी शांतताय, संयुक्तपणान सांबाळपाची तांक आसप. ताकालागून हि बसका खूब म्हत्वाची आसा, अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी सांगलें. तशेंच तणाव कमी करपाची प्रक्रिया मुखार वचप गरजेचें आसा, अशेंय तांणी सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या निमाणे कडेन, तियानजिनांत जावपी शांघाय सहकार संघटणेच्या शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर, प्रधानमंत्री मोदी चीनाक वचपाच्या आदीं ही बसका जाता.

ट्रम्प झेलेन्सकीची बसका - 70

युक्रेनांतलें झूज सोंपपाक मजत करपा खातीर, रशियन आनी युक्रेनच्या राष्ट्राध्यक्षां मदीं, समोरासमोर उलोवपाची वेवस्था करतले, अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केलां. काल रातीं व्हाइट हाऊसांत, युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की आनी हेर युरोपीय फुडाऱ्यांकडेन उलयल्या उपरांत, रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचेकडेन, आपुण उलयिल्ल्याचें ट्रम्प

हांणी, आपल्या सोशल प्लॅटफॉर्माचेर सांगलें. तांणी सांगलें, कि पुतीन आनी झेलेन्स्की हांचे मदीं बसकेची वेवस्था तांणी केल्ली आसा.

Chauhan - 50

केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांका, नकली खतां दिल्ल्यान, सोयाबीनाचे पीक पीडडयार जाल्याच्यो कागाळी मेळिल्यो. हाचेर उलयताना चौहान हांणी सांगले, की असल्या कंपना आड खरसाणीन व्यापक अभियान राबयतले. एक निरीक्षण समिती ह्या शेतांचे परीक्षण करतली आनी कंपनी आड कडक कारवाय करतले.

(Byte - Shivraj)

Nitish kumar - 80

जनता दलचे (संयुक्त) राष्ट्रीय अध्यक्ष आणि बिहारचे मुख्यमंत्री नितीश कुमार हांणी, उपराष्ट्रपती पदाखातीर, एनडीएचे उमेदवार म्हणून महाराष्ट्राचे राज्यपाल सी.पी. राधाकृष्णन हांका नामांकित करपाच्या निर्णयाचे स्वागत केले. कुमार हांणी म्हणले की, वेचणुकेत जेडी(यू), राधाकृष्णन हांका तेको दितले. नितीश कुमार हाणी सोशल मीडियार, एनडीएच्या उमेदवारा क शुभेच्छा दिल्या. हे विशी सांगताना, प्रदेशाध्यक्ष जे पी नडडा हाणी सांगले, की सगळ्याकडेन चर्चा करून सी. पी राधाकृष्णन हांका, N D A चे उमेदवार म्हण वेचल्या.

(Byte - Nadda)

**BREAK**

Lok sabha - 90

साबार मुद्द्यांचेर विरोधकांच्या गोंधळाक लागुन, काल संसदेचे दोनुय सभाघर दनपार २:०० मेरेन स्तगीत केले. राज्यसभेचे कामकाज सकाळी ११:०० क सुरू जाले तेन्ना, विरोधी पक्षांनी विशेष सघन सुधारणांच्या मुद्द्यार चर्चेची मागणी करत, निदर्शना सुरू केली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी, निदर्शक सदस्यांक शिटकावणी दिली, की जर तांणी सरकारी मालमत्तेचे नुकसान केले

जाल्यार तांचेर कारवाय करतले. लोकांनी सदस्यांक मुद्दे उपस्थित करपाक वेचून दिला. पुण  ते, कामकाजात आजमेळ हाडतात, जे योग्य न्ही. आवाहन करूनय, विरोधी सदस्यांनी निषेध सुरूच दवरलो. ते उपरांत, सभापतींनी सभाघह दनपार १२ मेरेन, स्तगीत केले.

(Byte - Om Birla )

Rijiju - 40

ऑपरेशन सिंदुर वेळार जशे सगळ्यां पक्षांनी एकजुट जावन दुस्मानाक बुद्ध शिकोवपी सेनेची तोखणाय केल्ली तेच प्रमाण कॅप्टन शुभाशु शुक्ला कुय सगळे राजकारण कडेक दवरून तोखणाय कुर तले अशी आस्त मंत्री किरेन रिजीजु हाणी उक्तायली.

(B**yte - Kiren Rijiju)**

जेके पावस - 140

जम्मू-काश्मीरांत फाटल्या सप्तकांत जाल्ल्या, विध्वंसक ढगफुटी आनी हुंवाराक लागून, बेपत्ता जाल्ल्या लोकांचो सोद घेवपाचे आनी बाधित कुटुंबांक आदार दिवपाचे यत्न, चालूच आसात.  किश्तवाड जिल्ह्यांतल्या चिसोटी गांवांत काल सेगीत पांचव्या दिसा मदत कार्य चालू आसले. आमच्या जम्मू खबरकारांन सांगला, कि मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 62 जाला, जाल्यार पुलिसांच्या नोंदी प्रमाण 41 जाण बेपत्ता आसात. मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो आनीक वाडूंक शकता, अशी शिटकावणी बचाव पंगडांनी दिल्या. विरोधी पक्ष फुडारी सुनील शर्मा हांणी सांगलें, हे सुवातेर दुख दिवपी स्थिती आसा.

मजगतीं, लश्करान बाधित सुवातेर बेली पूल बांदपाचें काम पुराय केलां. ताका लागून म्हत्वाची जोडणी मेळ्ळ्या, जी सोडवणूक कार्यावळी बेगीन करपाक मदत करता.  लश्कर, एनडीआरएफ, पुलीस, एसडीआरएफ, आनी थळाव्या स्वयंसेवकांचे बचाव पंगड, अथक परिश्रम घेवन सोडणूक कार्यात गुतल्यात. कारवाय चड खर

करपा खातीर आनी बळी पडपी लोकांक, तांच्या कुटुंबांक पुराय आदार दिवपा खातीर, सगळे यत्न सुरू आसात, अशें आश्वासन अधिकाऱ्यांनी दिलां.

Shooting –125

कझाकस्तानांतल्या शिमकेंटांत जाल्ल्या सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत भारताच्या गिरीश गुप्तान 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत भांगरा पदक जिखलां. फायनलींत गिरीशान 241.3 गूण मेळयले. भारताचो देव प्रताप हाणें 238.6 गूण मेळोवन रुप्या पदक जिखलें. भारतान पयल्या दिसा दोन भांगरा आनी तीन रुप्या पदकां मेळयलीं. कनिश्ट दादल्यांच्या हवाई पिस्तूलांत कपिल बैंसला हांणी भांगरा पदक जिखलें. तशेंच कपिलान वरिश्ठ आनी कनिश्ट दादल्यांच्या पंगडाचे सर्तींत रुप्या पदकां मेळयलीं. हाचे आदीं कपिलान 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत भारताक पयलें भांगरा पदक दिलें. भारताचो जोनाथन गॅव्हिन एंटनी हाणें कांस्य पदक जिखलें. कपिल, जोनाथन आनी विजय तोमर हांच्या पंगडान रुप्या पदक जिखलें. वरिश्ठ दादल्यांच्या विभागांत अनमोल ज[illegible], आदित्य मालरा आनी सौरभ चौधरी ह्या पंगडान रुप्या पदक जिखलें. बायलांच्या एअर पिस्तूल सर्तींच्यो निमाण्यो मॅची आयज चॅम्पियनशिपाच्या दुसऱ्या दिसा जातल्यो.

Archery – 50

जागतिक युवा तिरंदाजी अजिंक्यपद सर्त आयज कॅनडाच्या विनिपेग शारांत सुरू जातली. तातूंत 24 वांगड्याचो भारतीय पंगड वांटो घेतलो. ही सर्त 24 ऑगस्टाक सोंपता.63 देशांतले पांचशें सत्तर धनुर्धर तातूंत वांटो घेतले.

आयर्लंडांतल्या लिमॅरिकांत जाल्ले निमाणे आवृत्तींत भारतान स भांगरा पदकां सयत 11 पदकां मेळोवन पयल्या क्रमांकाचेर पावल दवरलें.

हवामान - 70

भारतिय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण आनी गोंयात घोग्यांनी चड पावस पडपाची शक्यताय उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

तशेंच छत्तीसगड, केरळ, माहे, तेलंगणा आनी विदर्भ वाठारांत व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास, हवामान खात्यानं उक्तायला. मध्य प्रदेश, मराठवाडा, ओडिशा आनी उत्तराखंडात लेगीत आयज, पावसाची अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. फुडल्या तीन ते चार दिसांत, दक्षिण व्दीपकल्प आनी लागसारच्या मध्य भारतात, पावस सक्रिय जावंपाची शक्यताय आसा, अशेंय आयएमडीन स्पश्ट केलां.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फुडले पिळगेंच्या सुदारणां खातीर, कार्य योजनांचो नियाळ घेवपाखातीर, उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली.

- चीनाचे विदेश वेव्हार मंत्री वांग यी, आयज राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांचेकडेन, शिम प्रस्नाचेर चर्चा करतले.

- युक्रेनांतलें झूज सोंपपाक मजत करपा खातीर, रशियन आनी युक्रेनच्या राष्ट्राध्यक्षां मदीं, समोरासमोर उलोवपाची वेवस्था करतले, अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केलां.

- कझाकस्तानांतल्या शिमकेंटांत जाल्ल्या, सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत, भारताच्या गिरीश गुप्तान 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत, भांगरा पदक जिखलां.

- भारतिय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार